सत्यमेव जयते

# केंद्रीय पासपोर्ट संघटना

## विदेश मंत्रालय

## चो वरस 2016 खातिर

## पासपोर्ट आनीक अन्य पासपोर्ट सेवा दिवपाक

## नागरिक अधिकारनामो



1. परिचय

1.1. विदेश मंत्रालय, भारत सरकाराकडल्यान आपणाल्या अधीनस्थ कचेरी (office) केंद्रीय पासपोर्ट संघटना आनीक देश- विदेशान आशिल्या पारपत्र जारी (दिवापी) अधिकार्याच्या जाल्यच्या माध्यमातल्यान भारतीय पारपत्र आनीक हेर भोवणी दुकूमेंत/ दस्ताएवज जशे वळखपत्र आनीक नियंत्रण रेखा (एल.ओ.सी.) पार भोवणी परमिट जारी करता.

1.2. भारतीय नागरिकांक पासपोर्ट आनीक हेर भोवंडेंचे दुकुमेंत / दस्ताएवज पासपोर्ट अधिनियन / करणी 1967 कायद्याप्रमाण जारी जाता.खंयच्याय मनशाकडेन अधिकृत परपत्र वा भोवंडेचे दुकुमेंत नासत जल्यार ही पार्पत्र करणी त्या व्यक्तिक भारतातल्यांत भायर वचपाची परवानगी दीना. हो अधिनियम/ कारणी भारताच्या खंयच्याय मनशाकडेन अधिकृत पासपोर्ट/पारपत्र तशेच भोवणी दुकुमेंत /दस्ताएवजावाचून भारताभायर वचपाची परवानगी दीना. हो अधिनियम पासपोर्ट आनी भोवंडी दुकुमेंतां कशीं जप्त वा रद्द करप तशेंच खंयच्या आदारार हीं पत्रां जप्त वा रद्द करुं येतात हे लेगीत स्पष्ट करता. त्याच तरेन न्हयकारीक पारपत्र , जप्तिकरण आनी रद्द जाल्लें पारपत्र इदी. खातीर चौकशी म्हूण उर्फाटी जाप विचारपाचीय केल्ली आसा.

2. नागरिकाचो अधिकारनामो (चार्टर)

2.1 हो नागरिकाचो अधिकारनामो (चार्टर) विदेश मंत्रालयातल्या केंद्रीय पासपोर्ट संघटनाच्या प्रशासनिक नियंत्रणान भारतात कार्यरत आशिल्या पासपोर्ट काचेरी/ कार्यालयाच्या माध्यमातल्यांत पासपोर्ट सेवा दिवापासंबंधि आसा. भारतीय मिशन वा पोस्टाच्या माध्यमांत देशाभायर परगावांत देशा भायर पासपोर्ट सेवा दिवाप ह्या अधिकारनाम्याच्या शीमेभायर आसा.

3. दृष्टि कथन:

3.1. विदेश मंत्रालय आपल्या पासपोर्ट दिवपी अधिकारयाच्या (पी.आई.ए.) तंत्राच्या माध्यमातल्यांन पासपोर्ट करणी, 1967 आनी नियमा भीतर पासपोर्ट दिवपाक कटिबध्द आसा, तेवुय वेळेर, पारदर्शक, व्यवस्थित , सोप्या , अधिक सुलभ , विश्वसनीय पद्धतीन आनीक आरामदायी वातावरणात, तेवुय योग्य प्रशिक्षित, समर्पित आणि प्रवृत्त जावन काम करपी लोकाकड़ल्यान.

4. सेवेची मांडावळ

4.1. * पासपोर्ट दिवप / जारी करप

* पुलिस हरकत नशिल्याचो दाखलो

* पासपोर्ट / पारपत्र सुवाडीन केलल्याचे/ त्याग केल्ल्याक्जो दाखलो

* पारपत्र आदारीत हेर सेवा दीवप

4.2. नागरिकांच्या फायद्याखातिर पासपोर्ट सेवेच्या सेवा दर (आकारणी) आनी गरजेच्या दुकुमेंतांसकट पुराय सूचना आनीक तांची म्हायती www.passportindia.gov.in पोर्टलार मेळता.

नागरिक मदतकाय सेवा:

| | |
|---|---|
| पासपोर्ट सेवा केंद्र (पी.एस.के.) | पी.एस.के. पुराय भारतात कार्यकारी मदतती, म्हायती खातिर किओस्क, फोटोकॉपी, खावपा-पिवपची व्यवस्था, सार्वजनिक फोनाची सोय, भूरग्याक सामाळपाक कूड(बाबी केयर रूम), टी.वी.,इलैक्ट्रिक टोकन प्रभंदन यंत्रणा, ए टी एम सोय आनिक अपंगाक लागून खास तजवीज केल्ली आसा. |
| म्हायती- संपर्क, ऑनलाइन नोंदणी, अर्ज, फी फ़ारिक करप , मेळपाचो वेळ आनी अर्ज ट्रॅकिंग | 'केन्नाय, खंचायकडेन ' (anytime, anywhere) तत्वार उपलब्ध आसा. नागरिकांक पासपोर्ट पोर्टलार ऑनलाइन तांचे अर्ज दीव येतात आनीक तांच्या लागीच्या पासपोर्ट सेवा केंद्र (PSK) भेटीचो येवजिल्या वेळर जी 1-7 कार्य दिवसांभीतर मेळता. पुन, वातावरणाक लागून वा जाग्याक लागून हातूंत बदल जांव येतात. |
| राष्ट्रीय कॉल सेंटर | निशुल्क संभाषणयुक्त प्रत्युतर दिवपी टेलीफ़ोन सेवा जी सकाळचे 8 ते 10 वरा मजगति वंगड़-वंगड़ 17 भारतीय भाशेनी सेवा दिता. |
| एस.एम.एस. सून स्थिति सांगपी सेवा | मुळावी निशुल्क मोबाइल एस.एम.एस. सेवेच्य वांगड़ा, सामक्या निमन्या दरात पर्यायी खाशेल्या (प्रीमियम) मोबाइल एस.एम.एस. सेवेचो लेगीत फायदो घेव येता. |
| ईमेल आधारित मद्दत | पासपोर्ट पोर्टलच्या माध्यमातल्यान नागरिकाल्या शंखा/प्रश्नांचो जाप दिवपी सेवा केल्ली आसा. |
| 'M-Passport Seva' (मोबाइल एप) | हो स्मार्टफोन वापरपी लोकङ्क्खातिर उपयोगाक येतलों असो मोबाइल ऑप आसा जातून पासपोर्ट विषयक म्हायती आनी अर्जाची स्थिती पळवपाक मेळटा. |
| पासपोर्ट जात्रा (मेला) | पासपोर्ट जत्रेचे आयोजन चड़शा फावटी पासपोर्ट कार्यालयान / पासपोर्ट सेवा केन्द्रांनी जाता सरकारी सुट्यो आशिल्यां दिसांनी नागरिकांक अर्ज दिवपाक वखत मेळतलो हाका लागून करता. |
| पासपोर्ट अदालत | पासपोर्ट अदलताचे आयोजन छदशा फावती पासपोर्ट काचेरेंनी/ कार्यालयान शीरकुन उरील्या कागाळे आनिक किचवातीच्या मुद्दान/ अर्जांन सोडवपाक जाता |
| पासपोर्ट सेवा कॉम्प | पासपोर्ट सेवा केंद्रासून पयस आशिल्या सुवातीर रावपी नागरिकांक, गरज आसल्यार कार्यालयसुन पयशिल्ल्या जाग्यार पासपोर्ट सेवा कॉम्प घेतले वता. |

6.सेवेच्य गूणवत्तेचे आनिक तेका लागपी वेळेचे मापदंड:

वैधनिक व्यवस्थेच्या हिशोबान अर्ज मेळल्यावापरान पासपोर्ट दिवपी अधिकारी (पी.आय.ए.) आपनाक जाय आशिल्या तपास केल्ल्या वापरान पारपत्र वा हेर भोवणी दस्ताएवज दिव शकता ना जाल्या अर्ज अस्विकार/ न्हयकारुं शकता. सखल दिलेली वेळ-मर्यादा ही पुलिस तपास (पी.वी.) ना जाल्यार आनीक खंयच्या तपास जे पासपोर्ट दिवपी अधिकारिच्या नियंत्रणाच्या भायर आसो येत्ता हांचेर निश्चित जाता.

| सेवेचे रूप | निर्देशात्मक वेळ- मर्यादा | शेरो |
|---|---|---|
| नवो (पयली फावट) पासपोर्ट मिळयताना (अशे अर्ज जातुन पासपोर्ट दिवच्या पयली पुलिस तपास करचो पडता ) | 30 कामाच्या दिसांत [पुलिस तपासाचो वेळ सोडुन ] | पुराय दुकुमेंत / दस्ताएवज मीळच्या तारखेच्यान , नांव नोंदणी जावं आनीक पासपोर्ट दिवपी अधिकारी समाधानी आसल्यार आनीक पुलिस तपास रिपोर्टात कित्ते हरकत नासल्यार. |
| नवो (पयली फावट) पासपोर्ट मिळयताना ( जातुन पासपोर्ट दिल्या वापरांत पुलिस तपास करु येता नाजाल्या पुलिस तपासाची गरजुच ना)<br>(i) तत्काल<br>(ii)सरकारी/ पी.एस.यु. कर्मचारी भी | 07 कामाच्या दिसांत | पुराय दुकुमेंत / दस्ताएवज मीळच्या तारखेच्यान , नांव नोंदणी जावं , तपास प्रमाण पत्र (verification certificate) / ओळख प्रमाण पत्र ( identity certificate ) / आक्षेप नासल्याचे प्रमाण पत्र (no objection certificate) हांच्या खरेपणाची खात्री जाल्या वापरांत आनीक पासपोर्ट दिवपी अधिकारी समाधानी आसल्यार . |
| पासपोर्टचे नविकरण/ नवोसो करप -<br>वैध्यता सोपिल्या -सोपोंक पाविल्या तशेच पासपोर्ट-पाना सोप्पिल्या पासपोर्टचे नविकरण/ नवोसो करप | 07 कामाच्या दिसांत [पासपोर्ट दिंवच्या पयली पुलिस तपास नका अशा अर्जा खातिर] | पुराय कागदोपत्र/ दस्ताएवज मीळच्या तारखेच्यान , नाव नोंदणी जावं , पासपोर्ट दिवपी अधिकारी समाधानी आसल्यार , पुन खनच्याच खाजगी म्हायती बदल आसुक फावा ना. |
| पासपोर्टचे नविकरण/ नवोसो करप - कारण<br>(अ) खाजगी / वैयक्तिक म्हायती बदल आनी/वा<br>(आ) शेणलेल्या/ फारयल्या/इबाड/ | <u>07 कामाच्या दिसांत</u><br>ज्या अर्जाक पुलिस तपासा पयली पासपोर्ट दिंव येता<br>आनी<br><u>30 कामाच्या दिसांत</u> | पुराय कागदोपत्र/ दस्ताएवज मीळच्या तारखेच्यान , नांव नोंदणी जावं , पासपोर्ट दिवपी अधिकारी समाधानी आसल्यार आनीक जाय आशिल्ये तपास/ |

| कुडके जाल्या पासपोर्टच्या बदल्याक/ एवजाक | ज्या अर्जाक पुलिस तपासा वापरानुच पासपोर्ट दिव येता | स्पष्टिकरणा वापरांत |
|---|---|---|
| हेर/ किरकोळ प्रकाराची सेवा जशी पुलिस आक्षेप नासल्याचे प्रमाण-पत्र (PCC), पासपोर्ट सुवादीन करपाचे प्रमाण पत्र (surrender certificate) वा हेर पासपोर्ट दाखलो | 03 कामाच्या दिसांत (पुलिस तपासाची गरज नाशिल्या अर्जाखातिर) | पुराय कागदोपत्र/ दस्ताएवज मीळच्या तारखेच्यान , नांव नोंदणी जावं , पासपोर्ट दिवपी अधिकारी समाधानी आसल्यार आनीक जाय आशिल्ये तपास/ स्पष्टिकरणा वापरांत |

7. अर्जदारांचे सामान्य बंधनकारक उत्तरदायित्व:

7.1. कायद्याप्रमाण पळयत जाल्यार सगळ्या पासपोर्ट अर्जदारांक खरी म्हायती आशिल्ले अर्ज आनीक वैध्य आनीक प्रामाणिक दस्ताएवज/ दुकुमेंत दिवप गरजेचे आसा. पारपत्र करणी, 1967 च्या तरतुती (provision) सखल कोणुय अर्जदार/ अर्ज करपी पारपत्र वा भोवणी दस्ताएवाज करून घेवपा खातिर कसल्याय तरेची कसलीय फटिंग म्हायती लिपुय शक ना. अशा भशेन काम करपी कोणूय अर्जदार 2 वर्सांची कैद वा ₹5000/- रुपयांचो तालाव वा दोनूय जाव शकता.

7.2. पारपत्र अर्जांक पयलीं थारायल्ल्या रुपांन (format) पारपत्रची पोर्टल : www.passportindia.gov.in वयल्यान ऑनलाइन दिवपाक जाय पडता आनीक ताच्या वयल्यान अर्ज करपांक दिल्ल्या वेळार (एप्पोइंटमेंट) येवन नांव नोंदणी (enorlment) करपा खातीर पी.एस.के. आपुणन (स्वत:) हाजीर यवन बायोमेट्रिक बोटाचे छाप (चिन्ह / impression), फोटो काडून घेवून, फी / शुल्क, लागू जाता तशी, सगळे करचे पड़ता. वयर दिल्ली/ नियमाप्रमाण वेळेची मर्यादा राखपाची आशा जशी लागू जाता तशी, अर्ज दिंवपी अर्जदारांन आपूण वेळेर सगळे प्रक्रिया पूराय केल्ल्यारूच पारपत्र दिवपी अधिकर्याकडल्ल्यान करू येता.

7.3. अर्जदाराक सल्लो दिल्लोवता की खंयचाय तरेचो दुबाव/ कागाळ करच्या पयली आपणाल्या अर्जाची स्थिती पळोवन घेयात.

8. कागाळ सोडवप व्यवस्था ( GRIEVANCE REDRESSAL)

8.1. खंयचीय कागाळ/शंका जी सेवा मापदंड पुराय जांवूक ना म्हणून सेवा दिवपाक आयिल्ले अपेस म्हणून वा पारपत्र दिवपी अधिकर्याच्या कर्यप्रणालीचे अपेस आसल्यार नोंद करु येता:

(क) केंद्रिय सार्वजनिक कागाळ निवारण आनी नदर दवरपी यंत्रणा (CPGRAMS) www.pgportal.gov.in

ना जाल्ल्यार

(ख) www.passportindia.gov.in ह्या पोर्टलाचेर नोंद करू येता

ना जाल्ल्यार

(ग) निशुल्क नंबर 1800-258-1800 हाचेर नोंद करू येता.

9. प्रक्रिया/सल्लो:

9.1. प्रक्रिया/सल्लो आसा जाल्यार दिव येता:

(क) www.passportindia.gov.in ह्या पोर्टलार फीड्बॉक हांगा क्लिक करुन.

(ख) निशुल्क नंबर 1800-258-1800 हाचेर नोंद करू येता.

(ग) बरवपाक मेळटा: सहायक पारपत्र अधिकारी (पी.जी), सर्वजनिक कागाळ प्रकोष्ठ, कुड क्रमांक:24, सी.पी.वी. प्रभाग, विदेश मंत्रालय, अटियाला हाऊस अनैक्स, टिळक मार्ग, नेवी दिल्ली- 110001.

दूरभास: 011-23384519, 23384497

फॅक्स : 011-23384461

ई-मेल: passport.pg@mea.gov.in

10. नागरिक अधिकार-नामो हाचेर पुनर्विचार जावपी फुडलो महिनो/वरास:

हो नागरिक अधिकार-नामो फेब्रुवरी 2016 काड्ला.

हो नागरिक अधिकार-नामो जुलै 2016 पुनर्विचार जातलो.